**Smart city 170**

मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश महेश सोनक आनी वाल्मिकी मीनेजीस हाणी आयज सोमारा सांजे पणजे शारांत स्मार्ट सीटी खाला सुरू आशील्ल्या कामांची है पळोवणी केली. स्मार्ट सीटीच्या कामांक लागुन शारांत / काय प्रदशण जायत आशील्ल्याचो दावो करित नागरीकानी उच्च उच्च न्यायालयात जनहित याचिका दाखल केल्या. हे याचीके संबंधात न्यायाधीशानी आयुज स्मार्ट सिटीच्या कामांची पळौवणी केली केली, स स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजीत रॉड्रिग्स हाणी न्यायाधीशांक कामांची माहिती दिली.

सांतिनेज- पणजेच्या पीडब्ल्यूडी कार्यालया मुखारचो रस्तो कॉक्रीटचो करपाचो आसा. हे काम पुराय जावपाक आनीक दोन म्हयने लागतले, अशें मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजीत रॉड्रिग्स हाणी सांगलें.

सांतिनेजच्या स्टर्लिंग अपार्टमेंट (झाकीज बिर्याणी) ते / काकुलो मॉल जंक्शन हांगचो पीडब्ल्यूडीच्या कार्यालया मेरेनचो रस्तो येरादारी खातीर पुरायेन बंद उरतलो. हैं काम पुराय जावपाक 2 महिने लागतले, अशी माहिती आता इमॅजिन पणजी स्मार्ट सिटी लिमिटेड अधिकारी/ G है संजीत रॉड्रिग्स हाणी दिल्या. ते प्रमाण सध्या हो रस्तो बंद करून खणपाचें काम सुरू केलां. भौशिक बांधकाम कार्यालय ते विवांता जंक्शन मेरेनचो रस्तो कॉक्रीटचो जातलो. येत्या ३१ मे मेरेन हैं काम पुराय जातलें.' अशी माहिती रॉड्रिग्स हाणी दिली. स्मार्ट सिटीच्या कामाक लागुन पणजेत येरादारीची कोयन्डी जातात.

**SUSHANT 140**

मडगाव पॉवरहाउस सर्कल लागसार शिवाजी आनी आंबेडकर हांचे पुतळे उबारतले

मडगावः मडगावच्या पॉवरहाउस सर्कल परिसर सोबीत कस्पाचे काम तीन टप्प्यानी जातलें/प पयल्या पावड्या काम हातांत घेतला है टप्प्याचे काम सध्या चालू आसा आनी तिसऱ्या टप्प्यांत पावड्यार येरादारी जुव्यांचे सोबीतकाय

करतले छत्रपती शिवाजी महाराज आनी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकराच्यो व्हड पुतळे उबारपाचे आसात. है काम गाळेळ्य साधनसुविधा म्हामंडळावरवीं / जातलें अशी म्हायती सुत्रांनी दिली.

काल आयज ह्या कामाची मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत हांणी पळोवणी केली. ताचे वांगडा नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर आनी नगरपालिका अभियंते हाजीर आशिल्ले. १४ एप्रीलाक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकार हांचो जल्मदीस त्या निमतान डॉ. बाबासाहेब आंबेडकार समितीन हांगा तात्पुरतो पुतळो उबारुन ती मनोवपाची परवानगी घेतिल्ली. हो पुतळो फकत तात्पुरतो आसतलो अशें सांगलां आनी ते खातीर ते मान्य आसात अशेंय कामत हांणी सांगलें. डॉ. अ ंबेडकार आनी छत्रपती शिवाजी महाराज हांचे पुतळे मडगावात ना मडगांव नगरपालिकेन तो बांदपाचो थाराव पास करून ताका मान्यताय दिल्या अशेंय कामत हांणी सांगलें.

**नसाद संघटणे वतीन आयोजन, गिरेस्त दायज सांबाळपाचो उलो 290**

फोंडे म्हालांतल्या बेतकी - केरीचे रानसाद संघटणे वतीन / शिगमो उत्सवात परंपरीक मांडजत सादरीकरण कार्यावळीचे आयोजन केलां. हैं सादरीकरण आयतारा 7 एप्रीलाक दनपारां 3 वरां सावन सुरू जातलें. ही कार्यावळ सावयवेरेंच्या पंचायत मैदानार जातली, अशी म्हायती संघटणेचे सचीव दिलीप पालसरकार आनी अध्यक्ष खुशाली तळकार हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

ह्या वेळार माचयैर उपाध्यक्ष राजेश सावयकार, भांडारी उमेश नायक, जोडभांडारी संतोष नायक, वांगडी पांडुरंग नायक, मोहन नायक, भालचंद्र सतरकार, नितीन नायक, रोहिदास नायक आनी तुषार सतरकार हाजीर आशिल्ले. हे कार्यावळीचो उद्देश स्पश्ट करतना सचीव दिलीप पालसरकार हांणी सांगलें, रानसाद संघटणा ही समाजीक मळा वयल्यो विवीध समस्या सोडोवचे खातीर तशेंच गोंयची परंपरीक सांस्कृतीक गिरेस्तकाय तिगोवन दवरचे खातीर 2019 त स्थापन जाली.

अंत्रूज म्हालाची ही सांस्कृतीक खण म्हूण वळख आसा./ शिगम्यांतले परंपरीक मांडजतीचें संकलन, सांबाळ आनी संवर्धन करप ही काळाची गरज आसा कारण

आमची संस्कृती हीच आमची खरी वळख आसा. सैमाच्या आलाशिऱ्यांत आनी आन पुर्वजांच्या आशिर्वादान लोककलेचें दायज फुडें व्हरचे खातीर ह्या तिसऱ्या मांडजत सादरीकरणाचो सुवाळो आयोजीत केला. संघटणेच्या पदाधिकाऱ्यांनी प्रियोळ मतदारसंघ आनी हेर कांय मतदारसंघांतल्या दरेका मांडांक प्रत्यक्ष भेट दिली आनी वह 28 पंगडांनी सध्या नांवनोंदणी केल्या, अशी म्हायती तांणी दिली.

ही जत सादर करचे खातीर खंयच्याच भेसाचें वा वेळाचें वा हेर कसल्याच नेम-अटींचो आस्पाव ना. कारण जर ह्या जतींक बंधनाचे फास्केंत दवरली जाल्यार ती खऱ्या अर्थान पुर्णत्वाक येवची ना.

आदल्या काळार मनरिजवणेचें साधन नाशिल्ल्यान कश्टकरी समाज जे तरेन मांडार सामको मेकळ्यापणान जतीचें सादरीकरण करतालो तेच पद्दतीन हे कार्यावळींत अश लेगीत जतीचें सादरीकरण जावचें अशी अपेक्षा दिलीप पालसरकार हांणी सांगलें.

हे कार्यावळींत विवीध वाठारांतल्या विवीध तरेच्या जतींचें सादरीकरण जातलें. लोकांनी ताचो आस्वाद घेवचो, अशें भांडारी उमेश नायक हांणी मागला. रानसाद संघटणेंत तरणाट्यांचो खुबूच उणाव आसा. ते खातीर चडांत चड तरणाट्यांनी हे संघटणेंत वांगडी म्हूण नांवनोंदणी करची आनी आमची ही सांस्कृतीक गिरेस्तकाय तिगोवन दवरची, असो उलो पांडुरंग नायक हांणी मारला.